*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**पर्वरीच्या मॉल द गोवांत दिपोत्सव प्रदर्शनाचे आयोजन**

ता. 12 ऑक्टोबर 2019

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान गोंय हस्तकला ग्रामीण आनी ल्हान उद्देग महामंडळाच्या जोड पालवान ता. 14 ते 16 ऑक्टोबर 2019 मेरेन पर्वरीच्या मॉल द गोवांत "दिपोत्सव" ह्या दिव्यांच्या प्रदर्शन आनी विक्री उत्सवाचे आयोजन केला. हे प्रदर्शन सकाळी 11.00 ते रातच्या 10.00 वरांमेरेन उकते आसतले.

गोंयांतल्या आप मजत गटांक आनी ग्रामीण आनी ल्हान उद्देगांक आपली हस्तकला उत्पादनां विकपाक व्यासपीठ उपलब्ध करप आनी प्रोत्साहन दिवप हो ह्या विक्री प्रदर्शनाचो उद्देश आसा. ह्या विक्री प्रदर्शनात हस्तकला वस्तूं, मातयेच्यो पंट्यों, दिवें, आकाश कंदील,मेणवाती, बॅग्स, ज्वेलरी, गोड खावपाचे जिन्नस आनी हेर वस्तूं विकपाक आसतल्यों, तशेंच प्रदर्शन काळात सांस्कृतीक कार्यक्रम, पारंपारिक नाच आनी हेर कार्यक्रमांचे आयोजन करतलें. दिव्यांची सजावट आनी आकाश कंदील सर्तीचेय आयोजन करतलें. हे सर्तीत वाटो घेवपा खातीर 0832-2374235 / 9561269582 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/685

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY. THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN, NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA